# <u>स्वातंत्र्य दिसा धांवपाच्या सर्तीचें आयोजन</u>

ता. 6 ऑगस्ट 2024

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्या निमतान 15 ऑगस्ट 2024 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर धांवपाच्या सर्तीचें आयोजन केला. धांवपाच्या सर्तीची सुरवात पणजेच्या पोरण्या सचिवालया कडल्यान जातली. सर्त तीन वर्गांत जातली. पयलो वर्ग 16 वर्सां सकयले चले आनी चलयां (सर्तकाचो जल्म 15 ऑगस्ट 2008 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय) खातीर पोरणे सचिवालय ते आयनॉक्स आनी परत, दुसरो वर्ग 19 वर्सां सकयले चले आनी चलयां (सर्तकाचो जल्म 15 ऑगस्ट 2005 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय) खातीर पोरणे सचिवालय ते कला अकादमी आनी परत आनी तिसरो उकतो गट सगळें दादले आनी बायलो आनी तांच्या खातीर पोरणे सचिवालय ते मिरामार आनी परत, अशी धांवपाची सर्त आसतली.

सर्तींत वाटो घेवपा खातीर https://forms.gle/BeLoXRvNbUtA5ckd8 चेर भेट दिवन गुगल प्रवेशिका भरची. चड म्हायती खातीर एपीईओ श्री. संजय के. शेटकर, मो. नं. 9763086029 आनी श्री. प्रकाश के. सतरकर, मो. नं. 9823269088 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/369

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.